# मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं जिल्हा पंचायत विकास येवजण आराखड्याचो शुभारंभ

ता. 26 एप्रिल 2023

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज उत्तर गोंय जिल्हा पंचायतीवतीन पणजे आयोजीत एका कार्यक्रमात जिल्हा पंचायत विकास येवजण आराखड्याचो शुभारंभ केलो.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान जिल्हा पंचायत विकास आराखडो येवजण सुरू केल्ल्यान संबंधीत लोकप्रतिनिधींक आपल्या मतदारसंघाचो योग्य तरेन विकास करपाक मदत जातली अशें सांगलें. ह्या फुडें जिल्हा पंचायतींक कोयर वेवस्थापन, पर्यावरण आनी उदकां सांबाळ, नितळसाण अशीं साबार विकास कामां करून गांवांतल्यो समस्या सोडोवपाक वाव मेळटलो आनी त्या खातीर सरकाराकडल्यान आर्थिक मदती वांगडाच हेर सगळें तरेचे सहकार्य मेळटले, अशें तांणी सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान फुडें उलयताना सांगलें, केंद्र सरकारान आत्मनिर्भर भारत मोहिमेखाला सर्वसामान्य लोकांच्या हिताखातीर अनेक येवजणो राबयिल्ल्यो आसून जिल्हा पंचायत वांगड्यानी सौर प्रकल्प, नुस्ते पोसप, सीवरेज प्लांट आशां प्रकल्प-येवजणांचे आराखडे तयार करून तांची नियोजनबद्द अंमलबजावणी करपाक सांगलें, जेणे करून अशें प्रकल्प आनी येवजणांती मदत स्वयंपूर्ण गोंयचे उद्दिश्ट पूर्ण करपाक जातली, अशेंय तांणी सांगलें.

पंचायत मंत्री श्री मॉविन गुदिन्हो हांणी जिल्हा पंचायतींच्या प्रतिनिधींक सामाजीक भावनेतल्यान योग्य नियोजन करून विकास कामां करपाचो उलो मारलो. हेडगी गोरवां, नितळसाण आनी हेर समस्या सोडोवपाचेर लक्ष दिवपाची गरज आशिल्ल्याचे तांणी सांगलें. जिल्हा पंचायतींनी कोयराचे योग्य वेवस्थापन करून गोंय नितळ आनी हरित राखपाखातीर पावला उबारपाक सांगलें.

उत्तर गोंय जिल्हा पंचायतीचे अध्यक्ष श्री सिद्धेश नाईक हांणी जिल्हा पंचायत विकास आराखडो न्हय फकत पायाभूत सुविधांच्या विकासा खातीर जाल्यार मनशाच्या विकासाखातीरय फायदेशीर थारतलो अशें सांगून विकास कामांखातीर अर्थसंकल्पात निधीची तरतूद वाडोवपाची मागणी केली.

पंचायत सचीव श्री मेनिनो डिसोझा हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं आदले जिल्हा पंचायत वांगडी श्री अनिल होबळे, श्री प्रेमनाथ म्हावळिंगकर, श्री विश्वनाथ प्रभू, श्रीमती अमोल मोरजकर, श्री पांडुरंग परब, श्री जयेश साळगांवकर, श्रीमती अंकिता नावेलकर, श्रीमती कुंदा चोडणकर, श्री राजेंद्र गावडे, श्री किशोर नार्वेकर, श्रीमती दीपिका प्रभू, श्रीमती मांद्रेकर, श्री वासुदेव कोरगांवकर आनी उत्तर गोंय जिल्हा पंचायतीचे प्रशासक म्हूण काम केल्ले अधिकारी श्री नारायण गाड, श्री एस व्ही नाईक, श्री कार्तिक कुडणेकर हांचो सत्कार केलो.

सुरवातीक उत्तर गोंय जिल्हा पंचायतीचे मुख्य कार्यकारी अधिकारी श्री अजय गावडे हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

कार्यक्रमाक श्री सगुण वाडकर, श्री धाकू मडकईकर आनी उत्तर गोंय जिल्हा पंचायतीचे हेर सगळें वांगडी उपस्थित आशिल्लें.

श्री प्रदिप नाईक हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले. जाल्यार उत्तर गोंय जिल्हा पंचायतीचे उपाध्यक्ष हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/333

--

-------------------------------------------------------------------------------------------
---------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.